**<u>कारागिर परीक्षांचो निकाल जाहीर</u>**

ता. 12 मे 2020

कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय संचालनालयान राज्य वेवसायिक प्रशिक्षण मंडळाखाला घेतिल्ल्या कारागिर परीक्षांचो निकाल परीक्षा मंडळान जाहिर केला. उत्तीर्ण उमेदवारांच्या आसन क्रमांकाची यादी संबंदीत आय.टी.आय. केंद्राच्या नोटिस बोर्डार लावपात येतली. तशेंच निकाल www.dsde.goa.gov.in ह्या संकेतथळार उपलब्ध केला.

कोवीड-19 संसर्गाक लागून लॉकडावनची परिस्थिती आशिल्ल्यान प्रशिक्षणार्थीक गुणपत्रीकां आनी प्रमाणपत्रां लॉकडावन काळ सोपले उपरांत वा राज्य सरकार आदेश दिता तेन्ना उपलब्ध करतले.

तशेंच अनुत्तीर्ण आनी नियमीत प्रशिक्षणार्थीक फुडल्या परीक्षेचो कार्यक्रम, गुणांची फेरतपासणी, परीक्षा शुल्क भरपाची तारीख परीक्षा विभागाकडल्यान उपरांत कळीत करपात येतली

सगळ्यां सरकारी आनी खाजगी आयटीआय केंद्रांच्या प्राचार्यांनी फुडल्या परीक्षेक बसपी प्रशिक्षणार्थींची यादी अ आनी ब पुरवणीतल्यान तारीख 20 मे 2020 मेरेन परीक्षा विभागाक फकत ई-मेलान धाडची.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/243

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA